**10.04.2025** @ 8.40 **am**

आकाशवाणी पणजी

2008 वर्सा मुंबयच्या आतंकवादी हल्ल्यातलो आरोपी तहव्वुर राणाक अमेरिकेंतल्यान प्रत्यर्पण करप हें मोदी सरकारच्या राजनैतिकतेचे यश अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी म्हणला.

राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांणी काल ब्रातिस्लावा हांगा स्लोव्हाकियाचे समपदस्त पीटर पेलेग्रीनी हांचे कडेन बसका आनी प्रतिनिधी मंडळ पातळेचेर चर्चा केली.

महावीर स्वामींची २६२३ वी जयंती म्हणजेच महावीर जयंती आज भक्तीन आनी उमेदीन मनयतात

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांर गुजरात टायटन्सान राजस्थान रॉयल्साक 58 धांवड्यांनी हारयले

ISSF विश्वचषक 2025 सर्तींतल्या नेमबाजीत, भारताच्या आर्या बोरसे आणि रुद्रांक्ष पाटील हांणी मिश्र 10 मीटर एअर रायफल सर्तींत रुप्या पदक जिखलें.

शाह 55

2008 वर्सा मुंबयच्या आतंकवादी हल्ल्यातलो आरोपी तहव्वुर राणाक अमेरिकेंतल्यान प्रत्यर्पण करप हें मोदी सरकारच्या राजनैतिकतेचे यश अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी म्हणला. भारतांतल्या लोकां कडेन वायट वागणूक करपी सगळ्यांक परत हाडप ही सरकाराची जापसालदारकी अशें तांणी सांगलें. खाजगी टीव्ही चॅनलाचेर उलयतना शाहा हाणी सांगलें, तहवूर राणाचेर भारतीय न्यायालयांत खटलो चलतलो ही देशा खतिर व्हडली कामगिरी. आयज राणा हाका खासा विमानांतल्यान भारतांत हाडटले अशी खबर आयिल्ल्यान शाहा हाणी हे विधान केलां. काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हाचेर नागरिकत्व दुरुस्ती कायद्या विशीं अफवा पातळावपाचो आरोप करून गृहमंत्र्यान टिका केली.

राफेल 40

भारत फ्रांसा कडल्यान 26 राफेल मरिन झुजारी विमानां विकतें घेतलो. फुडल्या सप्तकांत ही औपचारीक कबलात जातली. संरक्षण सुत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण २६ राफेल मरीन विमानांपैकी

२२ एकल आसनी आणि चार दुहेरी आसनी आसतली आनी भारतीय नौदळाच्या गरजां प्रमाण तांची रचना आनी तयारी करतले.

मुर्मू 75

स्लोवाकियाच्या भोंवडेर आशिली राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांणी काल ब्रातिस्लावा हांगा स्लोव्हाकियाचे समपदस्त पीटर पेलेग्रीनी हांचे कडेन बसका आनी प्रतिनिधी मंडळ पातळेचेर चर्चा केली. दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय संबंदांचे वेगवेगळ्या तासांचेर आनी सामायिक जागतिक आणि प्रादेशिक हितसंबंधांच्या मुद्द्यांचेर चर्चा केली.तशेंच दोन समजीकायेच्या कबलातीचीय देवाणघेवाण जाली. हातूतली एक म्हणल्यार भारताच्या राष्ट्रीय लघु उद्योग महामंडळ लिमिटेड आणि स्लोवाक व्यवसाय एजन्सी ह्यांचे मदि एमएसएमई क्षेत्रातले सहकार्य आणि दुसरे म्हणजे सुषमा स्वराज परराष्ट्र सेवा संस्था आणि स्लोवाक परराष्ट्र आणि युरोपीय व्यवहार मंत्रालय ह्यांचे मदले सहकार्य.

UK 50

भारत आनी युनायटेड किंगडम हांणी अर्थीक सेवा क्षेत्रांत, फिनटेक आनी डिजिटल अर्थवेवस्थेंत सहकार्य चालू दवरपाच्या त्यांच्या वचनबद्धतेची पुष्टी केली. काल दोनूय राश्ट्रांनी लंडनांत तेरावो अर्थीक आनी वित्त संवाद आयोजित केलो. अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांच्या फुडारपणा खाला भारतीय शिश्टमंडळान युकेच्या कुलपती राहेल रीव्हज हांच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या शिश्टमंडळा कडेन उंचेल्या पांवड्यावेली उलोवणी केली.

लद्दाख 90

लद्दाकात आज सावन सुरू जावपी लेह आनी कारगिल वाठारांतल्या वेगवेगळ्या जर्दाळू पिकोवपाच्या पट्ट्यांत जर्दाळू ब्लॉसम फेस्टिव्हल, २०२५ च्या संदर्भात कार्यावळी एक माळ आखता. ईशान्येक मेघालयांतल्या चेरी फ्लॉवर ब्लॉसम फेस्टिवलाची प्रेरणा घेवन लद्दाखान भारतांतलें एक लोकप्रिय पर्यटन थळ आशिल्ल्या इको टूरिझमाचो प्रसार करपा खातीर दोन वर्सां आदीं जर्दाळू फ्लॉवर ब्लॉसम फेस्टिवल सुरू केलो. फाटल्या हंगामांत कांय गांवांनी यशस्वी उत्सव जाले उपरांत ह्या हंगामांत आनीक गांव जोडल्यात आनी 4 मे दिसा तार गांवांतल्या उत्सवाचो निमाणो दीस जातलो , जाका केंद्रीय पर्यटन मंत्रालयान 2024 वर्सा जबाबदार पर्यटन वर्गा खाला सगळ्यांत बरो पर्यटन गांव म्हूण मान्यताय दिल्या.

शाह  180

फुडल्या स म्हयन्यां खातीर प्रशासनाच्या सगळ्या पांवड्यार नव्या गुन्यांवकारी कायद्याची शंबर टक्के अंमलबजावणी करपाक ओडिशा सरकारान प्राधान्य दिवचें अशें कैंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी  सांगलां. शाहा नवी दिल्लींत राज्याचे मुख्यमंत्री मोहन चरण माझी हांच्या हाजिरेंत ओडिशांत तीन नवे गुन्यांवकारी कायदे चालीक लावपा विशीं नियाळ बसकेचे अध्यक्षपदार आशीलले.  ओडिशांतल्या  पुलीस, बंदखणी, न्यायालयां, फॉरेन्सिक  आनी  न्यायालयीन  वेवस्थे संबंदीत वेगवेगळ्या नव्या तरतुदींची अंमलबजावणी आनी सध्याची स्थिती विशी हे बसकेंत नियाळ घेतलो. ओडिशा सारकिल्ल्या उदेत्या  राज्याचे उदरगती खातीर फुडलो दशक म्हत्वाचो आसा अशें गृहमंत्री शाह हांणी सांगलें. राज्याची फुडाराची उद्देगीक आनी तंत्रीक उदरगत विचारांत घेतल्यार कायदो आनी सुवेवस्था घटमूट करपाक तीन नवे गुन्यांवकारी कायदे म्हत्वाची भुमिका करतले अशें शाहा हाणी स्पश्ट केलें.

महावीर  150

महाराष्ट्रांत महावीर स्वामींची २६२३ वी जयंती म्हणजेच महावीर जयंती आज भक्तीन आनी उमेदीन मनयतात. 24वो आनी निमाणो तीर्थंकर भगवान महावीराच्या जल्माचो उगडास म्हळ्यार महावीर जयंती जैन समाजा खातीर व्हड आध्यात्मिक आनी संस्कृतीक म्हत्व आसा. महावीर जयंतीचें एक मुखेल आकर्शण म्हळ्यार रथयात्रा, जंय भगवान महावीराची मूर्त सजयल्ल्या रथाचेर दवरतात आनी भक्तीगीतां आनी जपां सयत भव्य मिरवणूक काडटात. भगवान महावीराच्या त्याग आनी आत्म-शिस्तीच्या मार्गाचेर चिंतन करपाचो हो दीस आनी भक्त ताच्या शांती आनी आध्यात्मिक जागृतायेच्या संदेशा प्रमाण जगपाचो हेतू दवरून प्रार्थना, देवळक  भेटी, धर्मादाय कृती, समाजसेवे वरवीं हो दिस मनयतात.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी उप राष्ट्रपती जगदीप धनकर हांणी महावीर जयंती निमतान नागरिकांक खास करून जैन समाजाक शुभेच्छा दिल्यात. अहिंसा आनी करुणेचो मूर्त रूप आशिल्ल्या भगवान महावीरान आपल्या अहिंसा परमो धर्माच्या संदेशांतल्यान मनीसजातीक नवो मार्ग दाखयलो, अहिंसा हो सगळ्यांत उंचेलो धर्म अशें मुर्मू हाणी  एका संदेशांत म्हणला. भगवान महावीराची सासणाची शिकवण आमकां चड दयाळु  आनी सुसंवादात्मक संवसाराचे वाटेर उजवाड घालता अशें उप राष्ट्रपतीन  संदेशांत म्हणला

आधार  70

नवो आधार कायदो डिजिटल पर्सनल डेटा संरक्षण कायदो च्या अनुरूप आसटलो आनी वापरप्यांचें हित केंद्रस्थानार  दवरतले अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. आधार कायदो चालीक लागलो तेन्ना कायदेशीर रचणुकेंत जायत्यो पोकळी आशिल्ल्यो, पूण आयज ते भरल्यात अशें ताणी सांगलें. पुराय कायद्याच्या मुळाक वापरप्यांचेर लक्ष केंद्रीत करपी आधार कायद्याची आधुनीक आवृत्ती हाडपाचेर तांणी भर दिलो. गरीब आनी मध्यमवर्गीय लोकांच्या जिवितांत परिवर्तनकारी बदल हाडप हें ह्या सरकाराचें लक्ष आसा अशें तांणी सांगलें.

ट्रम्प 110

एके व्हड घडामोडीत, अमेरिकेचे अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी चीन सोडुन  हेर सगळ्यां खातीर परस्पर शुल्काचेर 90 दिसांचो विराम जाहीर केला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत ताणी म्हणला की , ही 90 दिसांची सवलत परस्पर आनी 10 टक्के शुल्काचेर लागू जातली. अमेरिकेच्या अध्यक्षान सांगलें, की आपूण आपल्या शुल्क  येवजणेचो एक भाग म्हूण 90 दिसांचो विराम दिता, पूण चीना खतिर दरवाड रोखडीच 125 टक्क्यां मेरेन वाडयता. संवसारीक बाजारपेठे विशी चीनान केल्ल्या अनादराचेर आदारीत अमेरिकेन चीनाचेर घाल्ले शुल्क वाडयता अशें ट्रम्प हांणी सांगलें. फाटल्या सप्तकांत तांणी सवलतीच्या दरान  लागू केल्या हेर 75 राश्ट्रांक थाकाय दिली. काल ताचे आदीं चीनान अमेरिकेंतल्यान आयात केल्ल्या सगल्या वस्तूंचेर 84 टक्के शुल्क लादुन प्रती जाप दीली  जे तो काल रातीं मध्यान रातीं लागू जाले.

क्रिकेट 45

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांर गुजरात टायटन्सान राजस्थान रॉयल्साक 58 धांवड्यांनी हारयले.218 धांवड्यांचो लक्ष्य गांठताना राजस्थान पंगड 19.2 षटकांत फक्त 159 धांवड्यो करून भायर पडलो. ताचे आदीं फलंदाजी करपाचो पर्याय घेतल्या उपरांत गुजरातान निर्धारित 20 षटकांनी ६ बाद २१७ धावडयाचो   भक्कम आकडो उबारलो

बॅडमिंटन 40

बॅडमिंटनांत चीनांतल्या निंगबो शारांत चालू आशिल्ल्या बॅडमिंटन आशिया चॅम्पियनशिपांत भारतीय शटलर पीव्ही सिंधू, प्रियांशु राजावत आनी किरण जॉर्ज हांणी एकेरी प्री-क्वार्टर फायनलींत

प्रवेश केलो. दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी सिंधू आयज सकाळीं बायलांच्या एकेरी सर्तीच्या दुसऱ्या फेरयेंत जपानाची अकाने यामागुची हांचे आड खेळतली

शूटिंग 70

काल आर्जेन्टिनाच्या ब्युएनॉस आयरेसांत जाल्ल्या ISSF विश्वचषक 2025 सर्तीतल्या नेमबाजीत, भारताच्या आर्या बोरसे आणि रुद्रांक्ष पाटील हांणी मिश्र 10 मीटर एअर रायफल सर्तींत रुप्या पदक जिखलें. भारतीय जोडीक फायनलींत चीनाच्या वांग झीफेई आनी सोंग बुहान हांचे कडलयान 17-9 अशी हार खावची पडली. आता भारताची पदकांची संख्या चार भांगरा, दोन रुप्या आनी एक कांस्य पदकां मेळोवन सात मेरेन पावल्या आनी पदक तालिकेत चीना फाटल्यान दुसरे सुवातेर आसा. ही सर्त आयज सोंपतली .

टेनिस 35

टेनिसांत रोहन बोपण्णा आनी बेन शेल्टन पयले सर्तींत मॉटे कार्लो मास्टर्सांत दादल्यांच्या डबल्स क्वार्टर फायनलींत पावले. इंडो-अमेरिकन जोडयेन रोमांचक मॅचींत तिसऱ्या मानांकित इटालियन जोडी सिमोन बोलेली आणि आंद्रिया वावसोरी हे जोडयेक 2-6, 7-6, 10-7 अशे हारयले.

हवामान 80

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय आनी सिक्किम हांगा कांय सुवातींनी घोंगयानी पावस पडपाचो अदमास काडला. बिहार, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम, तमिळनाडू आनी केरळांतय अशीच परिस्थिती अपेक्षित आसा. भारतीय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण उत्तराखंड, झारखंड, हिमाचल प्रदेश आनी पंजाबांत विजांसयत वादळ येवपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, आयज रातच्या वेळार राजस्थान, मध्य प्रदेश आनी गुजरातांत उश्णतायेची ल्हार आनी उश्णताय राती बशेनऊच उरतली तशेच फुडल्या 3 दिसांत वायव्य भारतांत चडांत चड तापमान 2-4 अंश सेल्सियस ल्हव ल्हव वाडटलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. यांचे मुखवेल्यो राष्ट्रीयप्खबरो तुमका आयकूक मेळतल्यो **सांजेच्या** स वरा **30** मिनिटांचेर नमस्कार